# गोंय विद्यापीठान दोन प्रकल्प सहाय्यक पदांखातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 7 फेब्रुवारी 2025

गोंय विद्यापीठान भूंय विज्ञान मंत्रालय पुरस्कृत “Isolation, culture and identification of deep-sea metal-tolerant microbes with environmental applications” ह्या विशया वयल्या संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपाक दोन प्रकल्प सहाय्यक पदांखातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. हो प्रकल्प दोन वर्सां खातीर आसून निवड जाल्या उमेदवारांक गोंय विद्यापीठात भूंय, समुद्र आनी वातावरण विज्ञान विभागात संशोधन करचे पडटले.

उमेदवारा कडेन कमीत कमी 55 टक्के गुणांसयत समुद्री सुक्ष्मजीव (Marine Microbiology) विशयात एम.एससी. पात्रताय आसपाक जाय. bacteria, actinomycetes, thraustochytrid आनी fungal cultures हाताळपाचो आनी AAS / molecular कामचो अणभव आशिल्ल्या उमेदवाराक प्राधान्य दितले. म्हयन्याक 37,000/- रूपया मानधन आनी 8 टक्के घर भाडे भत्तो दितले.

मुलाखत 14 फेब्रुवारी 2025 दिसा दनपारां 2.00 वरांचेर भूंय, समुद्र आनी वातावरण विज्ञान विभागात, गोंय विद्यापीठ हांगा जातली. इत्सूक आनी पात्र उमेदवारांनी आपलो सीव्ही, शिक्षणीक दाखले आनी कामाच्या अणभवाचो दाखलो वांगडा हाडचो. तशेंच इत्सूक आनी पात्र उमेदवारांनी आपलो अर्ज विभाग मुखेली डॉ. सी. व्ही. बर्डे हांका chanda.berde@unigoa.ac.in चेर 13 फेब्रुवारी 2025 मेरेन ऑनलायन धाडचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/127

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.